Panaji National 26th January 2026 8.40am

- देश आज 77वो प्रजासत्ताक दीस मनयता.
- युरोपियन आयोगाच्यो अध्यक्षा उर्सुला फॉन डेर लायन आनी युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो लुईस सांतोस दा कोस्टा हे प्रजासत्ताक दिसा परेडांत मुखेल सोयरे आसतले.
- आत्मनिर्भरताय आनी स्वदेशी हीं देशाच्या अर्थीक फुडाराक आकार दिवपी मार्गदर्शक तत्वां अशें, राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी म्हळां.
- सरकारान 2026 वर्सा खातीर 131 पद्म पुरस्कार जाहीर केल्यात.
- काल जाल्ले तिसरे टी-20 क्रिकेट मॅचींत भारतान न्यूझीलंडाक 8 विकेटींनी हारयलो. पांच मॅचींची माळ भारतान 3-0 अशी जिखली.

Republic day -

देश आज 77वो प्रजासत्ताक दीस मनयता. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू नवी दिल्लीतल्या कर्तव्य पथावेल्यान देशाच्या प्रजासत्ताक दिसाच्या कार्यावळीचे फुडारपण करतल्यो. प्रजासत्ताक दिसाची परेड सकाळीं 10:30 वरांचेर सुरू जातली आनी भारताच्या संस्कृतीक विविधतायेचो आनी लश्करी सामर्थ्यचो एक आगळोच मेळ आसतलो. युरोपियन आयोगाच्यो अध्यक्षा उर्सुला फॉन डेर लायन आनी युरोपीय काउन्सिलाचे अध्यक्ष आंतोनियो लुईस सांतोस दा कोस्टा हे प्रजासत्ताक दिसा परेडांत मुखेल सोयरे आसतले.

ह्या संचलनात वेगवेगळी राज्यां, केंद्र शासित प्रदेश, केंद्र सरकाराची मंत्रालयां आनी खात्यांतले तीस चित्ररथ वाटेकार जातले.

PM RD –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी प्रजासत्ताक दिसा निमतान देशातल्या लोकांक परबी दिल्या. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी ह्या म्हत्वाच्या प्रसंगाक लागून नागरिकां मदीं एक विकसीत राष्ट्र उबारपा खातीर नवी उर्जा आनी उमेद निर्माण जातली अशी आस्त उक्तायल्या.

Prez Address –

देशाच्या आर्थिक भवितव्याक आकार दिवपाच्या प्रवासांत आत्मनिर्भरताय आनी स्वदेशी हीं मार्गदर्शक तत्वां आसात अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी अधोरेखित केले. देशाक उर्बा दिवपी आनी संवसारीक पांवड्यार आपली सुवात निर्माण करपी भारतांतल्या तरणाट्या उद्देजकांची, खेळगडे, शास्त्रज्ञ आनी वेवसायिकांची तांणी तोखणाय केली. राष्ट्रपती मुर्मू हाणी काल ७७व्या प्रजासत्ताक दिसाच्या पूर्वसांजेर देशाक संबोधित करतना ही वक्तव्या केली. देशांत संवसारांतली सगळ्यांत चड तरणाटे लोकसंख्या आसा आनी ताच्या तरणाट्यां कडेन अफाट प्रतिभा आसा अशें मुर्मू हांणी सांगलें. देशांतले व्हड प्रमाणांत तरणाटे स्वताच्या वेवसायांतल्यान येसस्वी जावपाचीं प्रभावी उदाहरणां सादर करतात अशें तांणी नदरेक हाडलें.

संवसारीक अनिश्चितताय आसून लेगीत, भारत सेगीत आर्थिक विकास करता अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें. भारत ही संवसारांतली सगळ्यांत नेटान वाडपी अर्थवेवस्था अशें तांणी म्हळें. देश येता त्या काळांत संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जावपाचो ध्येय साध्य करपाचे दिकेन वता अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी सांगलें. जीएसटी प्रणाली आनीकूय प्रभावी करपाच्या सरकाराच्या निर्णयाची तांणी तोखणाय केली.

PM MKB –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी देशांतल्या लोकांक, खास करून उद्देग आनी स्टार्टअपां कडेन संबंदीत आशिल्ल्या तरणाट्यांक गुणवत्तेचेर भर दिवपाचे आवाहन केले. काल आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यावळींत आपले विचार मांडतना मोदी हांणी सांगलें, उत्कृश्टताय हेच मापदंड आसूंक जाय. राष्ट्रीय मतदार दिसा विशीं उलयतना मोदी हांणी सांगलें, मतदार हो लोकशायेचो आत्मो. Byte 32

मलेशियांतल्या भारतीय समुदाया विशीं उलयतना, जो आपल्या संस्कृतायेचें सार सांबाळून दवरपाक आनी प्रसार करपाखातीर तोखणायेचें काम करता, मोदी हांणी सांगलें, मलेशियांत 500 परस चड तमिळ शाळा आसात. byte 20

Padma awards –

सरकारान 2026 वर्सा खातीर 131 पद्म पुरस्कार जाहीर केल्यात. ह्या पुरस्कारांत पांच पद्म विभूषण, 13 पद्मभूषण आनी 113 पद्मश्री हांचो आस्पाव आसा.

पुरस्कार मेळोवप्यां मदीं 19 बायलो आसात आनी 16 पुरस्कार मरणाउपरांत दिल्यात.
बॉलीवूड अभिनेतो धर्मेंद्र सिंग देओल हांकां कलेच्या मळार दिल्ल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर मरणा उपरांत पद्मविभूषण हो पुरस्कार फावो जाला.केरळचे के.टी. थॉमस हांका सार्वजनिक सेवेखातीर, उत्तर प्रदेशचे एन. राजम हांका कला क्षेत्रात आणि केरळचे पी. नारायणन हांका साहित्य क्षेत्रात देशाचो दुसरो सर्वोच्च नागरी सन्मान प्रदान केला. केरळचे आदले मुख्यमंत्री व्ही.एस. अच्युतानंदन हांका जन सेवेतल्या योगदानाबद्दल मरणा उपरांत पद्मविभूषण प्रदान केला. पद्मभूषण पुरस्कार फावो जाल्ल्यांचे वळेरेंत गायिका अलका याग्निक, उत्तराखंडाचे आदले मुख्यमंत्री भगतसिंह कोश्यारी, तमिळनाडूचो कालीपट्टी रामासामी पलानीसामी आनी केरळचो अभिनेतो ममूट्टी हांचो आस्पाव आसा. पीयूष पाण्डेय, वी०के० मल्होत्रा आनी शिबू सोरेन हांकां मरणाउपरांत पद्मविभूषण हो पुरस्कार फावो जाला.
सरकारान चवथ्या सर्वोच्च नागरिक सम्मान पद्म श्री पुरस्कारांची वळेरी जाहीर केल्या. कला, समाजीक वावर, भौशीक सेवा, वैजकी, खेळ ह्या सारक्या वेगवेगळ्या मळार विशिश्ट सेवे खातीर एकशें तेरा व्यक्तींची घोशणा केल्या. स्टार भारतीय फलंदाज रोहित शर्मा, प्रवीण कुमार आनी , भारतीय बायलां क्रिकेट पंगडाची कॅप्टन हरमनप्रीत कौर, बलदेव सिंग, के पजनिवेल, सविता पुनिया हांकां खेळां मळार दिल्ल्या योगदाना खातीर पद्मश्री फावो जाला.
उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन,प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हांणी देशा खातीर दिल्ल्या उत्कृश्ट योगदाना खातीर पद्म पुरस्कार फावो जाल्ल्या सगल्या जाणांक परबीं दिल्यात.
Jaishankar –
परराष्ट्र व्यवहार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी काल नवी दिल्लीत युरोपियन परिषदेचे अध्यक्ष Antonio Luis Santos da Costa आनी युरोपियन आयोगाच्यो अध्यक्षा उर्सुला फॉन डेर लायन हांची भेट घेतली. सोशल मिडिया पोस्टांत डॉ जयशंकर हांणी विस्वास उक्तायलो कि, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे बरोबर दोनूय फुडाऱ्यांची जावपा आशिल्ली चर्चा भारत-युरोपियन युनियनच्या संबंदांत नव्या अध्यायाची सुरुवात करतली.

डॉ. जयशंकर हाणी युरोपियन आयोगाच्यो उपाध्यक्षा कज्जा काल्लास हांच्या बरोबर फळादीक चर्चा केली. डॉ. जयशंकर हाणी सांगले, हे बसकेंत दोनूय वटांनी आपले आदानप्रदान वाडोवपाक आनी सहकारी अजेंडा मुखार व्हरपाक सहमती दाखयली.

ECI WB –

बसिरहाट-2 ची सहाय्यक वेंचणूक नोंदणी अधिकारी आनी ब्लॉक उदरगत अधिकारी सुमित्रा प्रतिम प्रोधान हांकां बेगोबेग प्रभावीपणान निलंबीत करपाचे निर्देश वेंचणूक आयोगान अस्तंत बंगालाच्या मुखेल सचीवाक दिल्यात. वेंचणुके संबंदीत कामांतल्यान तिका काडून उडोवपाक सांगलां. सुमित्रा प्रोधानान मतदार वळेरेंतल्या विसंगतीं संबंदीं कागाळी आयकुपा खातीर चार अधिकाऱ्यांची अतिरिक्त सहाय्यक वेंचणूक नोंदणी अधिकारी म्हणून नेमणूक केल्या अशें मुखेल सचीवाक बरयल्ल्या पत्रांत आयोगान सांगलां, जरी ह्या अधिकाऱ्यांक लोकांचें प्रतिनिधित्व कायदो, 1950 च्या कलम 13 सी खाला अधिकृतपणान केन्नाच सहाय्यक वेंचणूक नोंदणी अधिकारी म्हणून नेमणूक करूंक नाशिल्ली.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान आयज अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी उत्तर प्रदेशांतल्या कांय सुवातींनी दाट धुकें पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, गिलगिट-बाल्टिस्तान आनी मुजफ्फराबादात कांय सुवातींनी गडगड मारून कऱ्यांच्या पावसाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला.

BCCI –

बीसीसीआयचें आदलें अध्यक्ष इंदरजीत सिंग बिंद्रा हांका काल मरण आयले. तांची पिराय ८४ वर्सां आशिल्ली.

Cricket –

गुवाहाटींत काल जाल्ले तिसरे टी-20 क्रिकेट मॅचींत भारतान न्यूझीलंडाक 8 विकेटींनी हारयलो. पांच मॅचींची माळ भारतान 3-0 अशी जिखली. जसप्रीत बुमराहक player of the match पुरस्कार फावो जालो. हे माळेतली चवथी मॅच बुधवारा विशाखापट्टणमांत जातली.